म्हातारी बुद्द

जयमाला दणायत

म्हातारी बुद्ध

जयमाला दणामत

म्हातारी बुद्द

© लेखक : जयमाला दणायत

प्रकाशन क्रमांक : 222

1998

प्रकाशक :
प्रभाकर द. भिडे
राजहंस वितरण, 1-मीनाक्षी बिल्डिंग,
डॉ. व्होल्फांगु द सिल्व्ह मार्ग,
पणजी - 403 001

छपाई :
राजहंस ऑफसॅट, पणजी.

मुखपृष्ठ आनी सजावट :
दीपक पेडणेकार

मूल्य :
1998 - 12 /- रु.
1999 - 12 /- रु.
2000 - 15 /- रु..

म्हातारी बुद्द !

राजा भोज हो आपले प्रजेचें हीत दोळ्यांत तेल घालून राखण करपी म्हणून खूब फामाद आसलो.रातचो भेस बदलून आनी बरोबर प्रधान, सेनापतीक बी घेवन तो सदांच आपल्या नगराची भोंवडी करतालो. एकदां असोच तो आनी माघ पंडीत सदचे भाशेन रातची पासेय मारूंक भोंवताले. वतां वतां एके कडेन एके म्हातारेन तांकां हटकिले.

“कोण तुमी ?” तिणें तांकां विचारलें.

“आमी वाटसरू” आपली वळख दिनासतना राजान सांगलें.

“वाटसरू, यात्रीक. संवसारांत फकत दोनूच यात्रीक - एक सूर्य आनी दुसरो चंद्रीम - पूण तुमी दोगूय ते न्हय. तुमी कोण ?”म्हातारेन परतून प्रस्न केलो.

“बाये, आमी अतिथी.” हे फावट माघ पंडितान जाप केली. ‘किदें अतिथी ? ह्या संवसारांत अतिथी दोनूच. एक गिरेस्तकाय जी केन्नाच एकठांय तिगना आनी दुसरें तरणेपण जें सदांच उरना. तुमी दोनूय न्हय. तुमी कोण?” म्हातारेचीं बुदवंतपणां पळोवन त्या दोगांकूय अजाप जालें. निमाणें राजान तिका खरें सांगचें अशें थरोवन म्हळें,

"आमी राजा."

"राजा ? राजा दोगूच जाण आसात." म्हातारेन राजाक पुराय उलोवंक दिनासतना मदींच म्हळें -" एक वरूण राजा आनी दुसरो यमराजा. तांतले तुमी कोण ?" तिज्या उलोवण्याचेर नतमस्तक जावन माघ पंडितान हार पत्करली आनी म्हळें "आजये, तूं मोटी हुशार. तुजेमुखार आमी हारले गे बाये"

"किदें हारले? हांगा हारपी दोगूच - एक रीणकारी आनी दुसरो चलयेचो बापूय - हांतले तुमी कोण व्हय ?" तेबरोबर राजाय फाटीं सरलो आनी म्हळें "आजये, तुजे म्हातारे तीक्ष्ण बुद्‌दीची तोखणाय करची तितली थोडी. म्हज्या राज्यांत एक सामान्य नागरीक लेगीत इतलो बुदवंत आसा हाजो म्हाका भोव अभिमान दिसता. हांव -" राजाक आपलें उतर पुराय करपाक दिनासतना म्हातारी हांसून म्हणूंक लागली, "हांवें तुमकां हेदोळ वळखल्ले. तूं राजा भोज आनी हो तुजो माघ पंडीत म्हणून." म्हातारेचे खर बुद्‌दीची तोखणाय करून तिका राजान घसघशीत इनाम दिलें. म्हातारी व्हड खोशयेन आपल्या घरा गेली.

उदकाचें मोल

एकदां दोन राज्यांचे राजा मदल्यान व्हांवपी न्हंयच्या उदकाक लागून झगडूंक लागले - इतलें उदक म्हजें, इतलें उदक तुजें. करतां-करतां झगडें तोंडावयल्यान हाताचेर पावलें. दोगांयमदीं समजूत पटना जावन सदांचीं झगडीं इतलीं वाडलीं कीं दोनूय राज्यां झुजाची तयारी करूंक लागलीं.

भगवान बुध्दाक हें समजलें तेन्ना ताणें दोनूय राजांक आपोवन घेतले आनी तांचे मदल्या झगडीं आनी झुजाचें कारण विचारलें. ताणें म्हळें, "तुमी दोगूय आपापल्या राज्यांतल्या लोकांक उदक मेळना म्हणून झगडटात

आनी तेपसत झुजूंक तयार जाल्यात ? काय आनीक हेर कसलीं कारणां आसात ?"

दोगूय राजांनी सांगलें, "शे, शे. दुसरें आनीक कसलेंच कारण ना. पूण न्हंयचें उदक हे लोक चड वापरतात. दुसरो राजा म्हणूंक लागलो, "ना, ना. न्हंय म्हज्या राज्यांत चड व्हांवता. पूण उदकाचो चड वापर हे लोक करतात." आनी दोगूय थंयच म्हजें-तुजें करून झगडूंक लागले.

भगवान बुध्दान दोगांकूय थातारले. "रावात, झगड नाकात. म्हाका तुमच्या वादाचें कारण समजलें. आतां तुमी दोगूय म्हज्या एका प्रस्नाची जाप दियात पळोवया. उदकाचें मोल व्हड काय मनशाच्या रगताचें मोल व्हड?"

दोगांय राजांनी सांगलें, "हें आनीक विचारूंक जाय ? अर्थात मनशाच्या रगताची आनी उदकाची बरोबरी कशी जायत ? कितलेंय जाल्यार रगताचो वालोर चडूच न्हय ?"

बुध्दान म्हळें, "अशें जर आसा आनी तुमी हे समजुपा इतले सुबुद्द आसात जाल्यार मागीर उदकाखातीर झूज करून मनशाच्या मोलादीक रगताचे पाट व्हांवोवंचेलें किद्याक थरयतात? दोगूय आपापलेमदीं समजिकायेन नियाळ करात. आनी उदकाचें झगडें मेटयात.

दोगांय राजांनी लडायेचो विचार रोखडोच सोडून दिलो. आनी आपसांत उलोवणीं करून बुध्दाच्या मतान सवस्तकायेन निकाल लायलो.

जशाक तशें

एक माणकुलो गांव आशिल्लो. थंय एक भाटकार रावतालो. पयशांक सामको हिमटो. येद्‌दें कुस्कूट लेगीत ताज्या हातांतल्यान सुटनाशिल्लें. दारांत आयिल्ल्या भिकाऱ्याक तो चिमटीभर तांदूळ लेगीत घाली नासलो. उश्ट्या हातान कावळो आफुडना म्हणटात- बद्‌द तसले जातीचो आसलो तो भाटकार ! लोक ताका चिकू मारवाडी म्हणुनूच वळखताले.

एक दीस एक गरीब भुरगो ताज्या दारांत दनपारां पावलो आनी किदेंय खावंक आसा जाल्यार घाल म्हणून काकुटेक आयलो. हाणें ताका पयलीं बरोच तापोवन काडलो. आनी मागीर ताका सांगलें, तूं जर म्हगेर एक म्हयनोभर काम करशीत जाल्यार हांव तुका वीस रुपया दितां. भुरगो बावडो जेवणाखाणाचे आशेन तयार जालो. भाटकारान ताका सांगलें, स म्हयन्याचो पागामेंत दितना हांव तुका चार प्रस्न विचारतलों. तांच्यो चुकनासतना जापो दिल्यो जाल्यारूच तुका चार रुपया मेळटले. ना जाल्यार चार थापटां फुलोवन धांवडावन दितलों, कळ्ळें मरे ? "हय सायबा." त्या भुरग्यान तकली हालयली. आनी तो तागेर

कामाक लागलो.

तो भाटकार सदांच अशें करी. म्हयन्या म्हयन्याक ताणें कामाक अशे अडिल्ले भुरगे सोदून दवरचे आनी तांकां सदांच ही अट घालची. आनी म्हयन्याचो निमाणें पागामेंत दितना अशे प्रस्न विचारचे की तांची जाप त्या भुरग्याक दिवपाक येवंची न्हय. अशे तरेन सदांच तो त्या भुरग्याकडल्यान फुकट कामां करून घेवंचीं.

होय भुरगो तागेर असोच कामाक रावलो. सदांच ताणें आंग मोडून कामां करचीं आनी भाटकाराक खोशी करपाचो यत्न करचो. पूण हो मनीसच वेगळो- सामको



चामटो ! ताणें त्या भुरग्याक इल्लेंशें वाडचें आनी मरसर कामां सांगचीं. तो भुरगो मात बावडो उमथे मानेन कामां करतालो. अशे तरेन म्हयनो सोंपलो. निमाण्या दिसा भाटकारान त्या भुरग्याक पगार व्हरूंक आपयलो. आनी तो येतकीच ताका प्रस्न विचारपाक सुरवात केली.

रात्री म्हन्यांतच त्या भाटकारालें माजर बशिल्लें. भाटकारान त्या भुरग्याक विचारलें हे कितें?' भुरग्यान बावड्यान सादेपणान जाप केली, ''माजर''. ''चूक, साप्प चूक. हें माजर न्हय. ही निवळसाण.'' भाटकारान त्या भुरग्याचे तकलेर टंव् करून थापट मारीत सांगलें. मागीर परत रात्रींतल्या उज्याकडेन बोट दाखोवन विचारलें, ''हें किदे तें सांग.'' भुरग्यान बावड्यान जाप केली, ''उजो !'' 'शे शे, हो उजो न्हय. हाका सूख म्हणटात. समजलें. मागीर परत उदकाच्या तांबयाक बोट दाखोवन तिसरो प्रस्न केलो, ''हें तें किदें ?'' भुरग्यान सांगलें ''तो मातयेचो तांबयो.''

' ' न्हय न्हय. ती मनशाची कूड.''अशें म्हणून भाटकारान भुरग्याक आनीक एक थापट मारलें. शेवटाक ताणें घराच्या पाख्याकडेन बोट दोखोवन विचारलें हाका कितें म्हणटात सांग?''

''तें पाखें !'' भुरग्यान सांगलें.

"न्हय, ती उंचाय!" अशें म्हणून भाटकारान ताजेर चवथें थापट फुलयलें. आनी ताका सांगलें, "तुगेलो पागामेंत तुका पावलो. तूं सांजमेरेन चलूंक लाग." भुरग्याक मनांतल्यान राग आयलो. ताणें त्या भाटकाराक सारकी बरी बुद्द शिकोवपाचो विचार केलो आनी तो ओगीच रावलो.

बऱ्या वेळान भाटकार भाटांत भोंवंक गेलो. तो वतकच त्या भुरग्या कितें केलें? एक बरो व्हडलो आंगशाचो कुडको घेतलो, ताजी गुठली केली आनी ती तेलांत बुडोवन माजराचे शेंपडेक घट्ट बांदली. आनी ती पेटोवन माजराक

फरकाची काणी

भुरग्यांनो, आमी शाळेंत आसतना तुमचेभाशेन आमच्योय पिकनिको जावं सहली काडटालीं. पूण तुमचेभाशेन पावसांतली वर्षा सहल, शिंया तेंपावयली पिकनीक अशा वेगवेगळ्या नांवांनी वेगवेगळयो पिकनिको आसनासल्यो. वर्साक फकत एक पिकनीक आसताली. सादारण नोवेंब्र-देझेंब्रांत. पूण तातूंत मजा,करमणूक हांचेबरोबरूच वेगळे तरेन शिक्षणूय आसतालें. आनी सादारण भुरग्यांच्या आवय बापायच्या बोल्सांक परवडसारकी फी आसताली. तातुंतूय कोणाक तितले पयशे दिवंचेली तांक नासत जाल्यार तेवूय हेर भुरगीं वा शिकोवपी भागताले; पुरत्यान कोणाक वगळायनासतना सगल्या भुरग्यांक घेवन पिकनीक वताली.

हांवें सांगलां तशें तेन्नाच्यो पिकनिको ह्यो मजेबरोबरच खऱ्याखुऱ्या अर्थान शिक्षणीक सहली आसताल्यो. खंय पर्वतार व्हरून पर्वत देगणां, चड-उतार दाखोवन भुगोल शिकोवप, खंय किल्ले दाखोवन इतिहासाचो अभ्यास करप जाल्यार खंय बर्फाच्या कारखान्यांत व्हरून बर्फ कसो जाता, किदें करतात हाजी सगली बारीकसाण भुरग्यांक दिताले. म्हाका याद आसा मराठी दुसरेक काय तिसरेक आसतना आमच्या लागशिल्ल्या गांवांतल्या दोन-चार

शाळांची मेळून एक पिकनीक गेल्ली. तेन्ना आमकां फस्कांचो कारखानो दाखोवंक व्हेलीं. थंय दुसरे शाळेचो एक मनीस सर म्हणून आयिल्लो. ताणें मदींच सांगलें, "मुलांनो, हा बघा फस्कांचा भितल्ला आवार." ताज्या त्या शिकोवपाक सगलीं भुरगीं खोऽऽखोऽऽ करून हांशिल्ली याद जाता. सारकें मराठी उलय ना जाल्यार कोंकणी तरी उलय करून भुरग्यांनी बोवाळ घाललो आनी बाईलीं उलोवणीं खाल्लीं याद जातात. अशा ह्या फस्काची काणी आज हांव तुमकां सांगूंक सोदतां.

तुमचे मदल्या दरेकल्यान फस्क पळयलांच जातलें. केन्ना ना केन्ना हाताळ्ळांय जातलें. पूण आयच्या ह्या सोबीत रुपांत येवंक कितल्याशाच जाणांचे श्रम आनी बुद्द कामा

आयल्या हें तुमचेमदल्या कितल्या जाणांक खबर आसा? 'अतिपरिचयात अवज्ञा.' जावं, गांवचें चेंडूं मुतरें म्हणटात तेप्रमाण आमी ताजेविशीं चड बारीकसाणीन विचारूय करिनात.

खूब खूब पयलीं जेन्ना मनीस रानवटी अवस्थेंत जियेतालो तेन्ना रानवटी प्राण्यांपसून आपल्या जिविताचें रक्षण करूंक वा किदेंय कंदमुळां भाजून खावंक रातची पोल्ली पेटोवन लोक उजो करताले. पूण तेन्ना उजो करपाखातीर तांचेकडेन साधन अशें एकूच आशिल्लें. दोन कुपात्तर (विशिश्ट प्रकारचे धवे फातर) घेवन एकमेकांचेर घांसून उजो करताले. त्या तेंपार उजो करपाचें हें एकूच साधन- चकमक! 19 व्या शेंकड्यामेरेन हे चकमकीन उजो तयार करताले. इ. स. 1680 च्या सुमाराक एका इंग्लीश शास्त्रज्ञान- रॉबर्ट बीयलान- फॉस्फरसाचो सोद लायलो. तेन्नासावन फस्काकाडी तयार करचेले यत्न चालू जाले.

सगल्यांत पयलीं रॉबर्ट बीयलाचो इश्ट गॉडप्ली हॉकबिट्स हाणें काडी तयार केली. लांकडाचे ल्हान-ल्हान कुडके करून सल्फराच्या म्हणजे गंधकाच्या द्रावणांत भिजोवन सुकयले आनी ते कुडके मागीर फॉस्फरसाचेर घांसले म्हणटकच उजो तयार जावंचो. पूण अशे तरेन ह्यो काडयो तयार करपाचे पद्दतींत जायते दोश आसले. ताका घाण मारताली. तशेंच तें म्हारगूय पडटालें. तेभायर फॉस्फरस

एकदम विखारी. ह्या सगल्या कारणांक लागून ही काडी समाजांत रुजूंक पावलिना.

ताजेमागीर कांय शास्त्रज्ञांनी काडी तयार करूंक पॉटेशियम क्लोरेट आनी साकर हांची भरसण तयार केली. ह्या फस्काकाडयांचो उपेग फकत सैन्यांत जावंक पावलो. घरगुती उपेगाक वापरपाची काडी इ. स. 1830 उपरांत बाजारांत आयली. जॉन बेकर ह्या मनशान 1826त लुसीफर नांवाची फस्काकाडी तयार केली. बेकरान एण्टीमनी सल्फायड, पॉटेशियम क्लोरेट आनी हींग हांचो लेप तयार केलो. ही भरसण लांकडाच्या ल्हान-ल्हान कुडक्यांक उदकाच्या आदारान चिकटायली. लुसीफर हे काडयेउपरांत कांगेव ही काडी तयार जाली. हातूंत एण्टीमनी सल्फायडाबदला फॉस्फरसाचो उपेग केल्लो.

सन 1852 त पुराय तरेन सुरक्षीत अशी फस्काकाडी तयार जाली. स्विडनाच्या एका शास्त्रज्ञान हें फस्क तयार केलें. हातूंत उण्या धोक्याचें फॉस्फरस वापरिल्लें.

पयलीं-पयलीं फस्काकाडयो तयार करूंक एस्पियन लांकूड विदेशांतल्यान मागोवंचें पडटालें. आतां साबार जातींचें लांकूड वापरतात.

आमच्या देशांत-भारतांत 1916 चे सुरवातेक फस्कांकाडयो आनी फस्कां करपाचो उद्देग उदरगतीक आयलो आनी 1930 मेरेन फस्कांचे जायते कारखाने

देशांत जंय-थंय उबे जाले. आयज ह्या कारखान्यांनी तयार जावपी फस्कांकाडयांच्या तोंकाक पोटॅश, सल्फर, सरस आनी कांय मसाल्यांची भरसण करून लायतात. आनी जाचेर ही काडी घांसतात त्या फस्काचे पेटयेक तांबडें सल्फर, कंवचेचो चुरो आनी सरस हांची भरसण लायतात. पॉटेश आनी सल्फर जेन्ना एकामेकांचेर घांसतात तेन्ना उजो पेट्टा. हालीं तेंपार वेगवेगळ्या कंपन्यांचीं, तरेकवार रंगयाळीं फस्काचीं बॉक्सां मेळटात. एक छंद म्हणून एकठांय करतात तशो जायते जाण हीं फस्कां एकठांय जमोवंचेलो उद्‌देगूय उमेदीन करतात.

अशें तरातरांनी उपेग पडपी हें फस्क ! आतां फकत रांदचेकुडींत लायटर मोडल्यार आनी लायट गेल्यारूच उजवाड करचे पासत फस्काकाडी पेट्टा. आमच्या भुरगेपणांत लायट नाशिल्ली दिवलेकडेन चिमणी पेटोवन रातचो अभ्यास करपाचो ! तीनसांज जाली की देवाकडेन फस्काकाडयेन दिवली पेटोवन, मागीर सगल्या कुडींनी दिवे पेटोवप हें एक मुखेल काम आसतालें. गांवांत विडी आनी काडी बरोबर आसल्यार मोटमोट्यो वळखी आनी दाट इश्टागती जाताल्यो. जाणटेलीं मात भुरग्यां हातांत फस्काकाडी केन्ना पातयेवंची न्हय म्हणून जपतात. ताका लागून गंभीर अपघाताचो भंय !

अशा ह्या फस्काची ही साठां उत्तरांची काणी पांचां उतरांनी सुफळ संपूर्ण म्हणटां !

भुरग्यांखातीर नवीं ताल्ल पुस्तकां - संच दुसरो

जादवाचो आयणो	भरत नायक
झरो जालो म्हासागर	एन् शिवदास
दुद्या-तवश्या लगीन	कमलादेवी राव देशपांडे
हुंदराची शेंपडी	रमेश लाड
शिंवाचो बळी	पुंडलीक नायक
बुदवंत कोलो	सुमित्रा तांबा
पुरिल्लें धन	सुमित्रा तांबा
एक आशिल्ली हुनुल्ली	माधवी सरदेसाय
देवाची करणी	नरेंद्र कामत
पारोखी	कमलादेवी राव देशपांडे
नव्या भेटेक तेजस आनी ओजस	शीला कोळंबकार
म्हातारी बुद्द	जयमाला दणायत
तारवटी सिंदबाद भोंवडी १ ते ८	अभयकुमार वेलींगकार
माकडाचीं मस्ती पोरां	विजयाबाय सरमळकार
उंटावरचा शहाणा	गो. मु. आंबेसकर
कोल्हाची कहाणी	गो. मु. आंबेसकर
वाघाची मावशी	गो. मु. आंबेसकर
धडपड्या सोनीक	शिल्पा नाईक
धीट साची	शिल्पा नाईक
हट्टी अविशा	शिल्पा नाईक
हवेत उधळणारा घोडा	शिल्पा नाईक
बिनडोक कासव	शिल्पा नाईक
एक होता कोल्हा	शिल्पा नाईक
Squki	Rinea Dourado
Cocky	Rinea Dourado

हीं भुरगीं
पांखरां कशीं
आनंद पिशीं
शब्दवनांत
राजहंस
राजहंस वितरण
बऱ्या पुस्तकांची पंगत ! धरा आमची संगत !!